Panaji regional news 09.08.2025, 7.20pm

## मराठी चित्रपट महोत्सवाचे

१४ व्या गोंवा मराठी चित्रपट महोत्सवाचे उक्तावण आयज मुकेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्य हस्तुकी जालो. ह्यावेळार मराठी सिनेमा मळावेले अभिनेता, अभिनेत्री, दिगदर्शक, सिनेमा निर्माता हाजीर आशिल्ले. आयज आनी फाल्या अशे दोन दिस हो महोत्सव चलतलो. गोंयांत आयोजित जावपी मराठी चित्रपट महोत्सवाचे हे १४ वे वर्स, ह्या महोत्सवाक महाराश्ट्रासयत ,गोंयच्या सिनेमा रसिकांची गर्दी सदाच पळोवपाक मेळटा. फुडारात मराटी सिनेमा निर्मात्यांनी अशे सिनेमा तयार करतना गोंयच्या कलाकारं तशेंच टेक्निशियनांक घेवन सिनेमा निर्निती करची अशे करीत जाल्यार तांका ह्या सिनेमाखातीर सराकराची कासा सवलत लेगीत मेळटली अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. तशेच गोंयांत हिंदी बशेन मराट सिनेमा मोठ्या प्रमाणात दांखवपाक जाय अशे तांणी म्हळा.पणजे आयनोक्स हांगा ह्या महोत्सवाचो आयज उक्तावण सुवाळो जालो. ह्यावेळरा गोंय मनरिजवण संस्थेची उपाध्यक्षा डिलायला लोबो, पणजी म्हापालिकेचे मेयर रोहित मोन्सेरात, तशेचं हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. महोत्वादरम्यान नामनेचे ज्येश्ट मराठी सिनेमा भिनेता ड़ॉ. मोहन आगासी हांका सिनेमा मळार ताच्या योगदानाकातीर कृतज्ञता पुरस्कार दिलो. जाल्यार महोत्सवाची सुरुवात निरवध ह्या मराठी सिनेमाच्या वर्लड प्रिमियरान जाली. ह्या महोत्सवता २० सिनेमा दाखयतले. जाल्यार हांतुन सिनेमांचो वल्ड प्रिमियर जातलो. जाल्यार दोन कोकंणी कर्ज आनी एक कप च्या हे दोन लघुपट दाखयतले.

## मखेलमंत्री राखी

रक्षाबंधन हो भाव- भयणी मदीं आशिल्ले आपुलकायेचो सण. रक्षाबंधन ही परब भयण-भावाचें नातें घट्ट करपी परब. आयज रक्षाबंधनाच्या निमतान मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांका खुबश्या भयणींनी राखी बांदली आनी परबीं भेटयलीं. ह्या वेळार सुता पुनवेच्या निमतान मुखेलमंत्र्यांनी समेस्त गोंयकारांक परबीं भेटयलीं.

मुखेलमंत्री म्हूण हांव गोंयच्या सगळया भयणीं-बायलांची राखण करपाक कटिबद्ध आसा आनी बायलां खातीर जायत्या कल्याणकारी येवजण्यां वरवीं बायलांक आदार दिवपा खातीर म्हजें सरकार प्रामाणीकपणान वावुरता अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी स्पश्ट केलें.

रक्षाबंधनाच्या निमतान जायत्या बायलांनी मुखेलमंत्र्यांक राखी बांदली. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांकां शिवोलेची आमदार डिलायला लोबो हांणी राखी बांदली.

विधानसभा अधिवेशनांत घरां कायदेशीर करपा सयत जायते महत्वाकांक्षी निर्णय घेतना आमचें सरकार राज्यांतल्या लोकांक जायत्या गजलीं पसून थाकाय दिवपा खातीर वावुरता. रक्षाबंधनाच्या दिसा म्हाका राखी बांदून पवित्र नातें जोडपी राज्यभरांतल्या सगळ्या भयणींक हांव परबीं दितां अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें.

## मंत्री निळकंठ

नारळी पोर्णिमेच्या फांटभुयेर आयज नुस्तेमार कात्याचे मंत्री निळकंठ हळ्णकार हांणी बेती दर्यात बोटीर वचुन विधीवत समुद्र पुजा केली. ह्यावेळार तांणी दर्याक नाल्ल ओपलो ह्यावेळार नुस्तेर खात्याची संचालिका शर्मिला मोन्तेरो, तशेंच खात्याचे सचिव प्रसन्न आचार्य ,पणजे म्हापालिकेचे मेयर रोहित मोन्सेरात तशेंच हेर मानेस्त हाजिर आशिल्ले.गोंयात जुन आनी जुलै ह्या दोन म्हयन्याच्या काळात नुसेतमारी बंदी आसता. ते उपरांत नारळी पोर्णिमेच्या शुभमुहुर्ताचेंर नारळ ओपुन दर्याची पुजा केले उपरातं पारंपरीक रित्या नुस्तेमारीक सुरवात करपाची प्रथा आसा. गोंयात ही पुजा करुन नुस्तेमारी करपी नुस्तेकारांक सुरक्षित दवर, तशेचं नुस्तेमारी वेवसायत तका येस दि, तांची भरभराट कर अशे गाऱ्हाणे दर्याक आयज मंत्री निळकंठ हांणी घाले. ह्यावेळार मंत्री हळर्णकार हांच्या हस्तुकी नुस्तेमार खात्याच्या वेगेवगळया येवजण्यांचो लांव मेळिल्लया लाबार्थ्यांक मंजुर पत्रांचे वाटप केले.गोंय सरकार गोंयच्य नुस्तेमारांक उर्बा दिवपाक वेगेवगळयो येवजण्यो राबयता. हे सइवाय खात्यावतीन नुस्तेमारी, नुस्ते पोसपाविंशी मार्गदर्शन सत्र जातात. ह्या कार्यावळीचो लाव घेंवन तरणाट्यांनी नुस्तेमारीत वेवसाय करपाक मुखार येवचे अशे आवाहन तांणी ह्यावेळार केला.गोंयात

## राष्ट्रपती भवनात केपेच्या विद्यार्थ्यां वाटो

मडगाव : भावंडा आनी देश हांचे बंधन ह्या हेतून नवी दिल्ली हांगा राष्ट्रपती भवनात घडवण हाडील्ल्या एका खाशेल्या रक्षाबंधन उत्सवांत केपेच्या पीएम श्री मोरपीर्ला सरकारी हायस्कुलांतल्या चार विद्यार्थ्यांनी वाटो घेतलो.दक्ष वेळीप, प्रियंशु वेळीप, रंजीशा गांवकार, आनी रिधी वेळीप ह्या विद्यार्थ्याचो ह्या पांगडांत आसलो. तांचे वांगडा मुख्याध्यापिका मारिया मुरेना मिरांडा हांचोय आसपाव आसलो.राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी ह्या विद्यार्थ्यांकडेन संपर्क साधलो.ह्या रक्षाबंधनाच्या उत्सवाचो अणभव घेवपाक विद्यार्थी

रोमांचित आनी उमेदीन भरिल्ले. मोरपिरला ह्या आदिवासी गांवांतल्या आमच्या विद्यार्थ्यांक, राष्ट्रपती भवनांत रक्षाबंधनाचें सांस्कृतीक म्हत्व अणभवपाक मेळप ही भांगराळी संद असली अशें मुख्याध्यापिका मिरांडा हाणी सांगलें.

ह्या विद्यार्थ्यांनी राष्ट्रपती भवना वांगडाच भारत सरकारच्या शिक्षण मंत्रालयकय भेट दिली.

## तिरंग रॅलीचे योजन

गोंय खेळा आनी युवा वेव्हार संचालनालयावतीन आयज पणजे सारात सकाळी तिरंग रॅलीचे योजन केल्ले. ह्यावेळार पणझीच्य वेगेवेगल्या सालातल्या विद्यात्यांनी ह्या रॅलीत वाटो घेतिल्लो. जाल्यार संचालक अजय गावडे,तशेचं हेर मानेस्तांनी हांतुन वाटो घेतिल्लो. ह्यावेळार विद्यार्थ्यांनी वंदे मातरम, भारत माता की जय, जय जवान जय किसान अशे नारे दिले.ह्याशिवाय पणजे गौंय संहित म्हाविद्यालयान लेगीत हर घर तिरंगा रेर्लीचे आयज आयोजन केल्ले. ह्या रॅलीत विद्यार्थ तशेचं संगीत शिक्षकांनी वाटो घेतिल्लो. हर घर तिरंगा उपक्रमाच्या फांटभुयेंर तिरंगा सयत खासा फोटो काडपाची सर्त संगीत म्हाविद्यालयान आपल्या विद्यार्त्यांखातीर आयोजित केल्या.

## कोंकणी अकादमीचे कार्यावळी

कोंकणी भास संविधानाचे आठवे वळेरेंत पावली तो दिस राज्यांत कोंकणी राष्ट्रमान्यताय दीस म्हूण मनयतात. हो दीस म्हळयार २० ऑगस्ट. ह्या निमतान माध्यमिक - उच्च माध्यमिक शाळांनी कोंकणी भासे संदर्भातल्यो तरेकवार कार्यावळी घडोवन हाडच्यो अशें आवाहन कोंकणी अकादमीचे अध्यक्ष डॉ. पूर्णानंद च्यारी हांणी केलां. दरेक शाळेच्या कोंकणी विभागान घोशणां , गीतां, गायन , कविता सादरीकरणाच्यो वा हेर तरेच्या सर्ती आनी कार्यावळी आयोजित करून हो जैताचो आनी भोवमानाचो दीस मनोवचो अशें कोंकणी अकादमीन मांगला. सर्तीखातीरची इनामां कोंकणी अकादमी दितली अशेंय ह्या विशिंच्या खबरेंत म्हळां.

श्रावणधारा' साहित्य संमेलन

१० ऑगस्टक सांखळी येथे १० ऑगस्ट रोजी विठ्ठलापूर, सांखळी येथील वे. घनःशामशास्त्री जावडेकर सभागृहात आयोजित केले. सकाळी ९.३० वा. संमेलना उद्घाटन सोहळा पार पडेल. या सोहळयाच्या अध्यक्षस्थानी आणि प्रमुख पाहुण्या म्हणून मुंबईच्या प्रख्यात साहित्यिका आणि सूत्रसंचालिका सुकन्या जोशी उपस्थित राहणार आहेत.